आकाशवाणी पणजी

केंद्रांच्या प्रादेशिक खबरा

16 March 2025 सकाळी - 7.25

राणे टीसीपी - 140

उच्च न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण' टीसीपी कायद्याच्या कलम 17 (2) संबंदीत' नेम आनी मार्गदर्शक तत्वां' हातूंत सरकार बदल करतलें' अशें टीसीपी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलां. उच्च न्यायालयाच्या आदेशाचेर विचार करून' तेखातीर कायद्यांत गरजेचे बदल करपाक' टीसीपी मंडळाची बसका आपयल्या. मंत्री राणे हाणी मुखार सांगलें' कीं हे विशीं आपूण मुखेलमंत्री सावंत आनी भाजपाचे प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक हांचे कडेन चर्चा केल्या. उच्च न्यायालयान 17 (2) असंवैधानिक आसा' अशें सांगूंक ना. ह्या आदेशाचेर आमी खोशी आसात आनी न्यायालयान सुचयल्ले प्रमाण कायद्यांत बदल करतले. आदीं जाहीर केल्ल्या प्रमाण' सरकार सर्वोच्च न्यायालयांत वचचो ना' असो संकेत टीसीपी मंत्र्यानी दिल्यात. गोंयांत फुडें प्रादेशिक आराखडे नासूं येतात' पूण ताचे बदला विभागणी आराखडे आसतले' आसू येता. टीसीपी कायद्याच्या 39 (अ) विशीं न्यायालयान सकारात्मक मत दिलां' अशें तांणी सांगलें. कायद्याच्या 39 अ खाला' झोन बदलाचे अर्ज' 30 दीस सुचोवण्यो आनी हरकती खातीर उक्ते दवरल्या उपरांत' झोन बदल करूं येतात.

Subhash – 70

गोंय पुलीस, राष्ट्रीय रक्षा विद्यापिठाच्या सहकार्यान प्रशिक्षण, शिक्षण, आनी संशोधनावरवी पुलीस दळाची तांक वाडोवपा खातीर संयुक्तपणान वावुरपा संदर्भातल्या एके समजीकायेच्या कबलातीचेर हालीच सयो केल्यात. संलग्नताय आनी प्रमाणीकरण, शिक्षणीक आनी संशोधन कार्यावळी, प्रशिक्षण आदार, ऑनलायन आनी ऑफलायन कार्यावळी, अशा साबार वाठारांनी सहकार संशोधन आनी हेर गजालींचो ह्या कबलातींत आस्पाव आसा . अप-स्किलिंग आनी प्रशिक्षण कार्यावळी आयोजीत आनी सुरक्षा मळार नवनिर्माणांक प्रोत्साहन दिवपाच्या हेतान राष्ट्रीय रक्षा युनिव्हर्सिटीच्या तज्ञतेचो समन्वय सादप हो ह्या एमओयूचो मुखेल हेत आसा.

Sushant 140

लोकशायेंत लोक सर्वोच्च आनी भारत लोकशायेची आवय अशें राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी म्हनला. त्या खातीर नागरिकांचो सांबाळ बरे भशेन

करप, हे प्रत्येक शासनकर्त्याचे कर्तव्य जावन आसा, असे मत तांणी मांडले. तांणी मडगावच्या गुजराती समाज एज्युकेशनल ट्रस्ट स्पेशल एबिलिटी स्कूलाक भेट दिली. ह्या वेळार माचयेर मडगावचे आमदार दिगंबर कामत, गुजराती समाज एज्युकेशनल ट्रस्टाचे अध्यक्ष मुकेश सगलानी, राज्यपालांचे सचीव मिहिर वर्धन, एम. एम. राव, समाज कल्याण खात्याचे संचालक अजित पंचवाडकर आनी वर्षा नायक हे हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार राज्यपालानी संस्थेच्या अध्यक्षाकडेन अर्थीक मजतीचो धनादेश दिलो. त्याशिवाय असाध्य दुयेंसां कडेन झुजपी आनीक चार जाणांकय ह्या संदर्भात तांणी आर्थिक मजत भेटयली.

NSD 80

प्रजासत्ताक दिसा, निमित्त जाहीर जावपी पद्म पुरस्कार-२०२६ खातीर नामांकना/शिफारशी सुरू जाली. पद्म पुरस्कारां खातीर नामांकना/शिफारशी फक्त पोर्टलार ऑनलाइन मेळतली. पद्म पुरस्कार, पद्म विभूषण, पद्म भूषण आणि पद्मश्री, हे देशातल्या सर्वोच्च नागरी पुरस्कारांपैकी एक आसात. हे पुरस्कार 'विशिष्ट कार्य' वळखुपाचो प्रयत्न करता आणि कला, साहित्य आणि शिक्षण, खेळ, वैजकी, सामाजिक कार्य, विज्ञान आणि अभियांत्रिकी, सार्वजनिक व्यवहार, नागरी सेवा, व्यापार आणि उद्योग अशा सगळ्या क्षेत्रांत विशिष्ट आणि अपवादात्मक कामगिरी/सेवेखातीर दितात.

Prasad 190

फोंडा तालुक्यात अंत्रुज शिगमोत्सवाचें उक्तावण मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केलें. ह्या वेळार पर्यटन मंत्री रोहन ख्वाटे, कृशी मंत्री रवी नायक, राज्यसभा खासदार सदानंद शेठ तनावाडे, गोंय भाजपाचे प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक, फोंडा नगरपालिका नगराध्यक्ष आनंद नायक आनी फोंडा शिगमोत्सव समितीचे पदाधिकारी हाजीर आशिल्ले. पारंपारीक ध्वजाक माळ घालून आनी नाल्ल उबारून शिगमोत्सवाचें उक्तावण जालें. ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें की, गोंयांत शिगमो उत्सवाची व्हड परंपरा आसा आनी आमची संस्कृताय तिगोवन दवरपा खातीर सगल्यांनी वावुरचें. ही संस्कृताय आयचे तरणाटे पिळगेक दाखोवप गरजेचे, असे तानी सांगळे. उक्तावण सुवाळ्या उपरांत, शिगमो महोत्सवाची मिरवणूक आनी पारंपारीक रोमथा मेळ सर्त सुरू जाली.

अपूर्व प्रकाशनन आयज 16 मार्चाक, कला आनी संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा केंद्रीय साहित्य अकादेमी पुरस्कार जैतीवंत कवी आनी लेखक, सर्गेस्त संजीव वेरेंकार हांच्या दुसऱ्या पुण्यतिथी निमतान 'फाटल्यान वळून पळयतना....' ह्या तांच्या आत्मकथेच्या पुस्तकाचो विमोचन सुवाळो दवरलां. ही कार्यावळ सांजें 04:30 वरांचेर जातली. ह्या सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हूण आदली वीज मंत्री निर्मला सावंत, कार्यावळीचे अध्यक्ष म्हूण, अंदूचे साहित्य अकादेमी पुरस्कार विजेते मुकेश थळी हाजीर रावतले. ह्या कार्यावळींत सर्गेस्त संजीव वेरेंकार यादस्तीक, दुसरे अखिल भारतीय कोंकणी कविता लेखन सर्तीतल्या, जैतीवंताक इनामां भेटयतले.

राय डांबरीकरण - 100

राय वाठारात सुमार साडेतीन कोटी रुपये खर्चून रस्त्याचे हॉटमिक्स डांबरीकरण करपाचे काम सुरु जाले. आतामेरेन कुडतरी मतदारसंघात ५० ते ६० कोटींची रस्त्यांची कामा हातात घेतल्यात. तांतली दहा कोटी रुपयांची कामां पुराय जाल्यात, अशी म्हायती कुडतरीचे आमदार आलेक्स रेजिनाल्ड लाॅरेन्स हांणी दिली.

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे' मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें' आयज सांजे 7 वरा वीस मिनटांचेर. नमस्कार